प्रादेशिक खबरा

आकाशवाणी पणजीच्या

24.02.2025 @ 7.20 pm

मुखेल खबरो

- वीज खांब्यांक बांदिल्ले ब्रॉडबॅण्ड केबल तोडपाचे कारवायेक अंतरीम स्थगिती दिवपाक उच्च न्यायालयान न्हयकार दिल्ल्यान केबल ऑपरेटर्सां मुखार संकश्ट आनीक खर जालां
- राज्य शिक्षण प्रशिक्षण संस्थेन , गोंय राज्य एडस् नियंत्रण संस्थेच्या जोड पालवान शिक्षकांखातीर ' जीणे कुशळताय उदरगत ' विषयाचेर एका दिसाचे कार्यशाळेचे आयोजन केलां.
- वास्कोच्या रवींद्र भवनान 24 ते 26 फेब्रुवारीक कोंकणी चित्रपट महोत्सवा खाला तीन कोंकणी चित्रपटांचें आयोजन केलां.
- आयज 14 व्या डी.डी कोसंबी विचार महोत्सवाचे उक्तावण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले.

Ganesh 165

वीज खांब्यांक बांदिल्ले ब्रॉडबॅण्ड केबल तोडपाचे कारवायेक अंतरीम स्थगिती दिवपाक उच्च न्यायालयान न्हयकार दिल्ल्यान केबल ऑपरेटर्सां मुखार संकश्ट आनीक खर जालां. ब्रॉडबॅण्ड केबल ऑपरेटर्सांनी दाखल केल्ले याचिकेचेर सुनावणी आतां १८ मार्चाक जातली. शुल्काची थकबाकी भरूंक नाशिल्ल्यान केबल तोडपाची कारवाय सुरू करतले, अशें कार्यकारी अभियंते काशिनाथ शेट्ये हांणी स्पश्ट केलें. टेलिवीजन तशेंच इंटरनेट सेवा दिवपा खातीर वीजेच्या खांब्यांचो वापर करतात. विजेच्या खांब्यांक केबल बांदून सेवा दिता. हाका लागून वीज खातें शुल्क घेतात. फाटलीं पांच वर्सां शुल्क भरूंक नाशिल्ल्यान वीज खात्यान केबल तोडपाची कारवाय सुरू केल्ली. हाचे आड फाटल्या म्हयन्यांत वीज खात्यान कारवाय सुरू केली तेन्ना केबल ऑपरेटर्स सं‌ंघटणेन उच्च न्यायालयांत याचिका दाखल केली. केबल ऑपरेटर्सांनी उच्च न्यायालयांत केबल तोडपाची कारवाय फुडें धुकलपाची मागणी केली. ही मागणी उच्च न्यायालयान मान्य करपाक न्हयकार दिला. याचिकेचेर फुडली सुनावणी १८ मार्चाक जातली.

वीज खात्यान केबल ऑपरेटर्सांक शुल्का सयत दंड भरपाच्यो नोटिसो धाडिल्ल्यो. ह्या नोटिसांक केबल ऑपरेटर्सनी कसलोच प्रतिसाद दिवंक ना. हाका लागून वीज खातें खांब्यावेले केबल तोडपाची कारवाय सुरू करतले, अशें वीज खात्याचे कार्यकारी अभियंते काशिनाथ शेट्ये हांणी सांगलें.

Subhash 110

राज्य शिक्षण प्रशिक्षण संस्थेन , गोंय राज्य एडस् नियंत्रण संस्थेच्या जोड पालवान शिक्षकांखातीर ' जीणे कुशळताय उदरगत ' विषयाचेर एका दिसाचे कार्यशाळेचे आयोजन केलां कला ., शारिरीक शिक्षण , आनी समुपदेशन शिक्षकांनी ह्या कार्यशाळेंत वांटेकार जावंचे अशें आवाहन एसटीन .आर .ई .सी . पौंगडावस्थेंत विद्यार्थ्यांच्या शारिरीक आनी मानसीक अवस्थेंत जातात ते .केलां बदल मतींत घेवन तांका गरजते मार्गदर्शन मेळचें ह्या हेतान कार्यशाळेंचें आयोजन केलांगोवा वैजकी महाविद्यालयाचे दोतोर ह्या कार्यशाळेंत मार्गदर्शन . ही कार्यशाळा सोमार ३ मार्चाक सकाळी साडे णव ते सांजे ५ वरां मेरेन .करतले सगळ्या संबंधीत शिक्षका .पणजेच्या मिनेझीस ब्रागांझा सभाघरांत जातलींनी २६ फेब्रुवारी मेरेन गुगल फॉर्मावरवी नोंदणी करची अशें एसटीच्या संचालकांनी .. कळीत

DIP 50

दक्षीण गोंयच्या साश्ट म्हालातल्या कुंकळ्ळी नगरपालिकेचो वार्ड-10 खातीर 9 मार्च 2025 दिसा पोटवेंचणूक जावपाची आसून सरकारान पोटवेंचणूक जावपी वार्डांतले मतदार आशिल्ले उद्देगीक कामगांर, सरकारी खातीं आनी उद्देगांनी दिसवड्याचेर काम करपी, खाजगी वेपारी आस्थापनांनी काम करपी आनी हेर खाजगी आस्थापनांनी काम करपी सगळ्यां कामगारांखातीर आयतार ता. 9 मार्चाक दिसा भरपगारी सुटी जाहीर केल्या.

Mahesh 100

प्रसार माध्यम आनी मनरिजवण मळार भारताची म्हत्वाची सुवात आसा, देशांतल्या भौगोलिक भागात पसरलेल्या प्रतिभांसयत आपल्या गिरेस्त सांस्कृतीक दायजा वरवीं आकर्शक सामग्री तयार करता. प्रसार माध्यमां आनी

मनरिजवणेच्या मळार भारत एक मुखेल देश जावपाक तयार आसा. सामुग्री निर्मिती, गुंतवणूक गंतव्य आनी 'मेक इन इंडिया' संधींचा लाभ मेळोवपा खातीर तशेंच संवसारीक पांवड्यार पावपा खातीर भारताक one स्टॉप डेस्टिनेशन म्हणून ह्या शिखर सभेंत प्रचार करतले. संवसारीक ऑडियोव्हिज्युअल आनी मनरिजवण शिखर परिशद (WAVES) हो एम अँड ई उद्देगांत चर्चा, सहकार्य आनी नवोपक्रमांक चालना दिवपा खातीर एक मुखेल मंच आसा. ह्या कार्यावळींत उद्देग फुडारी, भागधारक, आनी नवोपक्रमकारांक एकठांय हाडून संद, आव्हानां, जागतीक वेपाराक चालना दिवप, आनी ह्या क्षेत्राच्या फुडाराचेर प्रभाव घालतले

Rajashri 110

वास्कोच्या रवींद्र भवनान कोंकणी चित्रपट महोत्सवा खाला तीन कोंकणी चित्रपटांचें आयोजन केलां. हो महोत्सव 24 ते 26 फेब्रुवारीक जातलो. हो चित्रपट महोत्सव सगळ्यां खातीर फुकट आशिल्ल्याची रवींद्र भवनाचे अध्यक्ष जयंत जाधव हांणी दिली. ह्या वेळार उपाध्यक्ष डॉ. धर्मेंद्र प्रभुदेसाय, सदस्य शांताराम पराडकार, रवळनाथ पेडणेंकार, अंकुश च्यारी, दामू कोचरेकार, सदानंद घोणसेकार, दिलीप काजळे तशेंच प्रवेश आमोणकार, रवींद्र भवनाचे अधिकारी बरेश नायक हजर आशिल्ले. ह्या महोत्सवाचें उक्तावण मुरगांवचे आमदार संकल्प आमोणकार हांचे हस्तकीं जातलें. 24 फेब्रुवारीक  सांजेवेळार सात वरांचेर दिग्दर्शक निहाल च्यारी हांचो 'आदेस' आनी 'सवंग' हे दोन कोंकणी शॉर्ट फिल्म दाखयतले. ताचे पयलीं 'श्री गजानन गणाराया' आनी 'श्री दामोदर म्हजा देवा' ह्या दोन म्युझीक व्हिडिओचें सादरीकरण जातलें. 25 फेब्रुवारीक सांजेवेळार सात वरांचेर 'काजरो' फिल्म दाखयतले.

Rashmi 180

तुम्ही यशाच्या पायरेचेर आसतना नात्यांक वीसरूंक जायना जीणेत येसुय महत्वाचे आनी नाते संबंध तीगोवन दवरप महत्वाचे .एकामेकाक समजुन घेवप,एकामेकाकडे उलोवप नात्यान महत्वाचे अशे मत नामनेचे प्रेरक वक्त गौर गोपाल दास हांणी व्यक्त केले.ते नाते आणी जीणेतले नातेसंबंध ह्या विशयाचेर14 व्या डीं डी कोसंबी  महोत्सवात उलयताले. आयज 14 व्या डी.डी

कोसंबी विचार महोत्सवाचे उक्तावण मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले. ह्यावेळार कला आनी संस्कृती खात्याचे मंत्री गोविंद गावडे ,कला आनी संस्कृती खात्याचे सचीव सुनील अंचीपका,संचालक सगुण वेळीप तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. गोंय ही विचारवंताची भुंय, ताका लागुन डी.डी कोसंबे विचार महोत्सव गोयांत जावप महत्वाचे अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.ह्यावेळार मंत्री गोविंद गावडे हांणी हो महोत्सव म्हळ्यार विचारवंताचो ,तशेंच सर्जनशीलतेचे महत्व आशील्लो महोत्सव अशे म्हणला.ही कार्यावळ कला अकादमीच्या मास्टर दीनानाथ मंगेशकर सभाघरात जाली.ह्यावेळार व्हडा आकड्यान शालेय ,उच्च माध्यमीक तशेच डी. डी कोसंबी विचार महोत्सवाचे मोगी हाजीर आशील्ले. ताण घेव नाकात,ते तुमका मानसीक त्रास दीता,आयुश्यात येवपी प्रत्येक आव्हानाक सामोरे वचात, तुमचे will power तुमची जीण घडयता,यशाच्या फाटल्यिन धावुंक नाकात,ते कशे मेळटले ताचेखातीर काम करात,तुमची जीण तुमीच घडोंवक शकता ती घडोवपाक दुसऱ्याचेर निंबुन रावुंक नाकात अशे मत गौर गोपाल दास हांणी ह्यावेळार व्यक्त केले.

Ganesh 170

अर्थसंकल्पाक आतां फकत एक म्हयनो आशिल्ल्यान खात्या वतीन अर्थसंकल्पाची तयारी नेटान सुरु आसा. आतां मेरेन ८० टक्के खात्यांच्यो बसका पुराय जाल्यात. खात्याच्या मंत्र्यांक आढावो सादर केले उपरांत मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत अर्थसंकल्पातल्या तरतुदींचो आढावो घेतले. खातें मुखेली कडल्यान ही म्हायती मेळ्ळी. अधिवेशन २४ मार्च ते २६ मार्च ह्या काळांत जातलें. अर्थसंकल्पाची तारीख निश्चीत जरी नासली तरी तो २६ मार्चाक सादर जावपाची शक्यता आसा. अर्थसंकल्पाक आतां एक म्हयनो आशिल्ल्यान खात्या वतीन आता निमाणो आढावो घेतले. अर्थ खात्या वतीन विवीध खात्यांच्यो ८० टक्के बसका पुराय केल्यात. गोवा चेंबर, लघु उद्येग संघटना, टीटीएजी, बार ऍन्ड रेस्टॉरंट ह्या संघटनांच्या प्रतिनिधीं वांगडा आतां मुखेलमंत्री बसका घेतले. ह्यो संघटना मागण्यांचें निवेदने मुखेलमंत्र्यांक सादर करतल्यो. केंद्रीय अर्थसंकल्प फेब्रुवारींत सादर केला. केंद्रीय अर्थसंकल्प सादर केले उपरांत फेब्रुवारींतूच राज्याचो अर्थसंकल्प सादर करतात. तरी अंदू खात्यांच्यो येवजण्यो आनी निधीच्या तरतूदीं खातीर वेळ मेळचो, म्हणून अर्थसंकल्पाक कळाव जालो.

पर्यटन, नुस्तेंमारी, कृषी हांतल्या केंद्रीय येवजण्यांची राज्याच्या अर्थसंकल्पांत पुनरावृत्ती जावची न्हय, हाचीय दक्षता घेतले. अंदू धावी आनी सके खातीर राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाची कार्यवाय जाता.

'मन की बात' 180

कृत्रिम बुद्धिमत्तेच्या क्षेत्रात भारत वेगान एक मजबूत वळख निर्माण करता अशे प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी यांनी म्हळा. आकाशवाणीचेर 'मन की बात' या त्यांच्या म्हयनाळ्या रेडिओ कार्यक्रमात तांणी म्हणले की, भारतातले लोक नवीन तंत्रज्ञानाचो अवलंब करपाक आणि प्रयत्न करपाक कोणाच्याच फाटी नात. हालीच जाल्या AI कृती शिखर परिषदे खातीर पॅरिसकल गेल्या भारताच्या भेटीवेळार या क्षेत्रातल्या भारताच्या प्रगतीचे जगान कौतुक केले हे पळोवन म्हाका आनंद जालो अशे त्यांनी सांगले. गेल्या महिन्यात इस्रोच्या 100व्या रॉकेटाचे प्रक्षेपण देशान पळयिल्याचो ताणी अभिमान व्यक्त केलो. अंतराळ शास्त्रज्ञांच्या टीमीत बायलांचो सहभाग सतत वाढत आशिल्याचे त्यांनी समाधानान नमूद केले. अंतराळ क्षेत्र तरुणांच्या पसंतीक आयिल्लेबद्दल त्यांनी आनंदय व्यक्त केलो. या महिन्याच्या २८ तारखेक राष्ट्रीय विज्ञान दिन मनयतले . प्रधानमंत्रान  श्रोत्यांक 'वैज्ञानिक म्हणून एक दिस' पाळपाचे आणि संशोधन प्रयोगशाळा, तारांगण वा अवकाश केंद्राक भेट दिवपाचे आवाहन केले.प्रधानमंत्रानी जाहीर केले की बायलां दिसानिमित्त ते एका दिसा खातीर त्यांची सोशल मीडिया खाती वेगवेगळ्या क्षेत्रातल्या देशातल्या कांय निवडक प्रेरणादायी बायलांक सुपूर्द करतले. 8 मार्चाक ते आपले काम आणि अणभव लोकांसमोर मांडतले.  जर बायलांक हाचो भाग जावुंक जाय तर ते नमो ॲपार तयार केल्या विशेष माचये वरवी सामील जावुंक शकतात आणि बायला दिसानिमित्त त्यांचो संदेश पुराय जगाकडे शेअर करपाची संधी मेळोवंक शकतात.

IMD 50

राज्यात उदेंते वटेन वारें वाहत. राज्यात हवामान सुकें हवामान आसा • पणजीत सर्वाधिक कमाल तापमान ३३.५° सेल्सिअस किमान तापमान २३.०° सेल्सिअस आर्द्रता ४६%नोंद जालां

•राज्यांतल्या उत्तर गोंय आनी दक्षिण गोंय जिल्ह्यांनी हवामान सुकें उरपाची शक्यताय आसा. हवामानविषयक सूचना ना दक्षिण गोंय जिल्ह्यांत हवामान सुकें उरपाची शक्यताय आसा• सकाळी उथळ ते मध्यम धुके पडण्याची शक्यता आसा

आनी आता खबरो सोपोवचे पयली काय मुखेल खबरो

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक  खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें फालया सकाळी सात वरा पंचवीस  मिनटांचेर. नमस्कार